# कामाच्या थळार बायलांची छळणूक प्रकरणांची चवकशी करपाक समीती नेमपाची सक्ती

ता.26 मार्च 2018
5 चैत्र 1940

बायलांची कामाच्या थळार जावपी लैंगीक छळणूक आनी हेर प्रकारची सतावणूकीआड कारवाय करून बायलांक कामाच्या थळार सुरक्षीत वातावरण उपलब्ध करपाखातीर कायद्याची तरतूद आसून ह्या कायद्याची सरकारी कार्यालया, संस्था, उद्देगीक आस्थापनां, शिक्षण संस्था, खाजगी संस्थां, हॉस्पिटलां, खेळां संस्था आनी हेर कार्यालयां आनी आस्थापनांनी खात्याअंतर्गत कागाळ चवकशी समिती नेमपाची सक्ती केल्ली आसा.

ह्या कायद्याची अंमलबजावणी करपाक उत्तर आनी दक्षिण जिल्हो न्यायदंडाधिकारी हांची जिल्हो अधिकारी आनी संबंदीत तालूक्याचे मामलेदार आनी नगरपालिका मुख्याधिका-यांची तांच्या संबंदीत वाठाराखातीर नोडल ऑफिसर म्हूण नेमणूक केल्ली आसा.

खाते/कार्यालय अंतर्गत समितीचेर कामाच्या थळार काम करपी बायल कर्मचा-यामदल्या ज्येश्ठ बायल कर्मचा-याची अध्यक्षीय अधिकारी, बायलांच्या हक्काखातीर काम करपी वा समाजसेवेचो अणभव आसपी वा कायद्याचे ज्ञान आसपी खास करून कर्मचा-यामदल्या कमीत कमी दोन वांगडी आनी लैगीक छळणूक प्रकरणासंबंदीत बायलांच्या हक्काखातीर वावूरपी बिगर सरकारी संस्था वा संघटनेच्या एका सदस्यांचो आसपाव आसचो.

सरकारी कार्यालयां, संस्था, शिक्षण संस्था, खाजगी संस्था, हॉस्पिटलां, खेळां संस्था आनी हेर संस्थानी अशी समिती गठीत केल्ल्याचो अहवाल संबंदीत जिल्होधिका-याक दिवचो.